

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय २७ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्गुरूसाईनाथाय नमः ॥ दृढ धरल्यार सद्गुरूचरण । घडटा ब्रह्मा विष्णु महेश दर्शन । साक्षात परब्रह्म अभिवंदन । स्वानंदघन सुप्रगट ॥१॥ मारतकूच दर्यांत एक बुडी । मेळटा सकल तिर्थांची समृद्धी । बसतकूच सद्गुरू चरणीं मारून दडी । मेळटा दर्यातळाक देव सगले ॥२॥ जय जयाजी साई सद्गुरू । जय जयाजी मोक्षकल्पतरू । जय जयाजी निजबोधसागरू । करात आदार कथेक ॥३॥ पावसा खातीर जसो चातक । तसो भावीक तुज्या कथामृताक । पियेवन तुजे भक्त सकळीक । जावचे सुखी सदांकाळ ॥४॥ आयकतकूच तुमच्यो कथा निर्मळ । घाम आंगाक येवचो सकळ । दोळ्यांत खोसयेची उमळ । उरचो लीन प्राण सदांच ॥५॥ मनाक येवचो [1]गहिंवर । कांटो फुलचो वयलेवयर । रडपाचे हुडके वारंवार । घडचे सपरिवार श्रोत्यांक ॥६॥ सोंपचो सासणाचो परस्पर विरोध । ल्हान–व्हड हो भेदाभेद । होच गुरूकृपा [2]अवबोध । घेवचो सोद अंतरांत ॥७॥ मेळना [3]हो नदरेन दाखोवन । ज्ञानेंद्रियांक अशक्य ग्रहण । सद्गुरू बगर हें दाखोवपी कोण । मेळना त्रिभुवनांत सोदल्यार ॥८॥ काम क्रोध हे विकार अपशम । भक्तीभाव उपाट प्रेम । जाले बगर निश्ठा गुरूपदीं परम । जायना उगम अश्टभावांचो ॥९॥ भक्ताचें जें निजसूख । तातुंतूच परम खोस गुरूक । भक्त जितलो परमार्थ उत्सूक । तितली तोखणाय गुरूक ताची ॥१०॥ देह घर घरकान्न पूत । हांव

---

१. भरतें. २. ज्ञान. ३. गुरूकृपा अवबोध.

म्हजें हे व्याप फुकट । ही सगली माया बनावट । जशी सावळी दनपारची ॥११॥ बादची न्हय मायेची गुंतागूंत । अशें जर आसत मनांत । साईचरणीं पूर्ण जायात । शरणागत अनन्य भावान ॥१२॥ लावपाक मायेचो अंत । वेदशास्त्र्यांनी तेंकयले हात । पळयतलो जो भुतीं भगवंत ॥ तोच तो तरतलो खात्रेन ॥१३॥ सोडून निजामशायी । धन्य तो पाटील चांदभाई । वांगडा घेवन फकीर साई । आयलो सुरवातीक नेवाशांत ॥१४॥ थंय वर्स स म्हयन्यांचो । जातालो राबितो फकिराचो । थंयच कमा कानड गांवचो । रावलो तांच्या सांगाताक ॥१५॥ आसूं, फुडें नामनेची [1]टाकळी । घेवन थंयचो दगडू तांबोळी । कमा अशी मंडळी आयली । बाबां वांगडा शिरडीक थंयच्यान ॥१६॥ सगल्याक जाग्याजाग्यांचेर । पवित्र थळां तिर्थां अपार । पूण साईंच्या भक्तांक मात । शिरडीच भोव पवित्र ॥१७॥ नशिबान जर येवंक नासलो योग । खंयचो मागीर हो महाभाग । आमकां गरिबांक [2]हो संयोग । व्हड भाग्य हें आमचें ॥१८॥ जे जे भक्त शरणागत । [3]साधपाक तांच्या कार्याचो अर्थ । साई तांकां दाखयत यथार्थ । सन्मार्ग तांच्या हिताचो ॥१९॥ तरी श्रोत्यांनो एकाग्र मनान । करात सच्चरीत आवर्तन । तें हें परम गुरूकृपा साधन । चरित्र पावन श्रीसाईंचें ॥२०॥ फाटल्या अध्यायांत निरुपण । एकल्याक ताच्या गुरूपदीं स्थापन । दुसऱ्याक जागयलो दिवन । खूण अक्कलकोट स्वामींची ॥२१॥ एकल्याचो चुकयलो आत्मघात । आंखून येवजण अकल्पीत । जिवदान दिलें खीणभरांत । टाळून आयिल्लें मरण ॥२२॥ आतां ह्या अध्यायांत कथन । केन्ना साई कशे प्रसन्न । जावन करीत अनुग्रहदान । सूखसंपन्न भक्तांक ॥२३॥ दीक्षाप्रकार तो अद्भूत । कसो कोणा कडेन जायत । विनोदपूर्ण हांसत खेळत । आयकात श्रोत्यांनो सावचीत ॥२४॥ उपदेशाच्यो तरा असंख्यात । सांगल्यात आदीं ह्याच ग्रंथांत । जशी

१. एके वनस्पतीचें नांव. २. श्रीसाई सांगाताचो. ३. मेळोवपाक.

जाची ग्रहणशक्त । सांगताले मार्ग तसोच ।।२५।। वैजाक कळटा रोगाचें निदान । ताकाच कळटा मात्रेचो गूण । पिडेस्ताक नासता ताची जाण । म्हणटा हाड गोड पयलीं ।।२६।। गोड गोड तरीय वायट । पिडेस्त ताचे खातिरूच धरता हट्ट । धरिना वखदाची वाटी हातांत । दवरले बगर गोड हातार ।।२७।। चलना सक्ती पिडेस्ताचेर । वैज येवजण आंखता मागीर । हेत साध्य करचे खातीर । आदीं गोड मागीर दिता वखद ।।२८।। मात प्रमाण बदलता ताचें । जातूंत दोश लिपतात गोडाचे । तोंड कडू जायना घेवप्याचें । तीच रीत श्रीसाईंची ।।२९।। होच न्हय सगल्याक नेम । अधिकार आनी मनोधर्म । जशी सेवा भक्त प्रेम । तसोच उपक्रम अनुग्रहाक ।।३०।। बाबांची एकेक कृती अजापीत । कोणाचेरूय जेन्ना प्रसन्न जायत । ताका मागीर अनुग्रह दीत । आयकात कशे रितीन तो ।।३१।। आयलें म्हणटकूच तांच्या मनांत । नासतना कोणाच्या मनां ध्यानांत । सहज फकांडां करीत करीत । करताले कल्याण भक्तांचें ।।३२।। इत्सा जातकूच वाचपाची ग्रंथ । सहज येतालें भक्तांच्या मनांत । दिवन ग्रंथ बाबांच्या हातांत । प्रसाद म्हूण तो घेवचो ।।३३।। उपरांत त्या ग्रंथाचें वाचन । केल्ल्यान जातलें श्रेयसंपादन । आयकुपी सांगप्याचें परम कल्याण । प्रसादपूर्ण आयकप तें ।।३४।। कोण दशावतार चित्रां । कोण दशावतारांचीं स्तोत्रां । कोण गीते सारकीं पवित्र पंचरत्नां । ओंपताले पुस्तकां चरित्रां ।।३५।। दासगणूय ओंपीत संतलीलामृत । जाल्यार केन्ना भक्तलीलामृत । कोण विवेकसिंधु ग्रंथ । बाबा ते दिताले शामा कडेन ।।३६।। म्हणटाले शामा पुस्तकां व्हरात । दवरात हीं बांदून घरांत । शामा नमळायेन आज्ञा मानीत । दवरताले पुस्तकां दप्तरांत ।।३७।। भक्त अशें चिंतून मनांत । दुकानांतल्यान ग्रंथ हाडीत । ते दिवन बाबांच्या हातांत । प्रसाद म्हूण मागचे ।।३८।। सभाव बाबांचो जरी उदार । हेंय करपाक लागता धीर । व्हरताले माधवरावांक बरोबर । काडटाले तांकां मुखार ।।३९।। तांचे कडल्यान बाबांच्या हातांत । संद पळोवन

दिताले ग्रंथ । बाबांक जशें ग्रंथाचें म्हत्व । तशीच जाणीव भक्तस्थितीचीय ॥४०॥ भक्तांनी ग्रंथ दिवचे । बाबांनी ते सहज चाळचे । मागीर ते परत मेळचे । म्हणून पसरचे हात भक्तांनी ॥४१॥ पूण बाबा ते दवरून घेत । काडून शामा कडेन दीत । भितर व्हरून दवर म्हणीत । नीट सांबाळून सारके ॥४२॥ तेन्ना शामा बाबांक म्हणीत । हे जे भक्त पसरतात हात । तांचे तांकां दिवया परत । तरीय ते सांगताले दवरूंक ॥४३॥ काका महाजनी नांवाचे भक्त । वाचताले जे नेमान भागवत । घेवन वांगडा ग्रंथाची प्रत । आयले एकदां शिरडीत ॥४४॥ माधवरावांक मेळपाक आयले । वाचपाक म्हूण पुस्तक उखल्लें । हातांत धरून मशिदींत गेले । सहज विचारलें बाबांनी ॥४५॥ शामा हें पुस्तक कसलें । शामान सगलें बाबांक सांगलें । बाबांनी तें हातांत घेतलें । दिलें परत पळोवन ॥४६॥ हेंच पुस्तक हीच प्रत । हेंच नाथांचें भागवत । दिल्लें स्वता बाबांनी हातांत । महाजनींच्या आदींच ॥४७॥ ग्रंथ न्हय तो मालकीचो । आसा काका महाजनींचो । जाल्या इत्सा तात्पुरतो वाचपाचो । सांगलें स्पश्टपणान ॥४८॥ तरीय बाबांनी म्हणलें शामाक । जे अर्थीं हांवें हो दिला तुका । दवर तूं तुज्या संग्रहाक । येतलो उपेगाक दप्तरांत ॥४९॥ आसूं, कांय तेंपान परत । काका महाजनी आयले शिरडींत । येतना हाडलें दुसरें भागवत । स्वता ओंपलें हातांत साईंच्या ॥५०॥ प्रसाद म्हणून परत दिलें । ‘‘नीट सांबाळून दवर’’ म्हणलें । तेंच जिवाभावाक तुमच्या येतलें । दिलें आस्वासन काकांक ॥५१॥ ‘‘हेंच तुज्या उपेगाक येतलें । दिवं नाका कोणाक तत्काळ’’ म्हणलें । अशें व्हड कळकळेन सांगलें । स्विकारलें प्रेमपूर्वक तें काकांनी ॥५२॥ बाबा स्वता [१]अवाप्तकाम । पदार्थ वस्ती विशीं पूर्ण निश्काम । भागवत जांचो आचरण धर्म । गरज कित्याक संग्रहाची ॥५३॥ कोणाक कळत बाबांचें मन । पूण हें

१. जांच्यो सगल्यो इत्सा पूर्ण जाल्यात अशे.

ग्रंथांचें संमेलन । वेव्हारी नदरेन अती पावन । आयकुपाचें साधन निजभक्तांक ॥५४॥ शिरडी आतां पवित्र थळ । देशोदेशींचे शिश्य सकल । येवन एकठांय वेळावेळार । मांडटले जेन्ना ज्ञानसत्र ॥५५॥ तेन्ना हे ग्रंथ येतले उपेगाक । दप्तरांतल्यान दाखोवपाक शामाक । आपूण जेन्ना वतलों निजधामाक । जातले प्रतिमा ग्रंथ हेच ॥५६॥ अशे हे ग्रंथ परम पावन । आसूं शिरडी वा हेर स्थान । वाचतना भक्तांक स्मरण जावन । संग्रहकारण थारचे ॥५७॥ जावं रामायण वा भागवत । परमार्थाचो खंयचोय ग्रंथ । वाचतकूच रामकृष्णाचें बी चरीत । दिसताले साईच सगल्याक ॥५८॥ दिसतालें ह्या ग्रंथांचे विभुतींत । साईच नटला ते ते स्थितींत । आयकुपी, सांगपी नित्य पळयतात । मुखार मुर्ती श्रीसाईंची ॥५९॥ ग्रंथ ओंपतात गुरूक । वा दितात दान ब्राह्मणांक । तातुंतूय आसा पुण्य दिवप्याक । शास्त्र प्रमाण ह्या अर्थाक ॥६०॥ हें कितें स्वल्प प्रयोजन । वा जें शामाक बाबांचें नियोजन । तुवें हे ग्रंथ व्हरून । दवरचे सांबाळून कार्यालयांत ॥६१॥ जसो शामा भक्त निस्सीम । तितलेंच ताचेर बाबांचें प्रेम । ताका लावचो कितेंय तरी नेम । उपरासली इत्सा साईंमनांत ॥६२॥ तेन्ना तांणी पळयात कितें केलें । जरी शामाच्या मनांत नासलें । तरीय अनुग्रह करपाक लागले । कशे रितीन तें आयकात ॥६३॥ एका दिसा मशिदींत । बुवा रामदासी एक । आसलो ताचो नेम । रामायण वाचपाचो ॥६४॥ फांतोडपारार तोंड बी धुवन । न्हावन शुद्ध भस्म लावन । भगवें वस्त्र न्हेसून । मांडलें तांणी अनुश्ठान ॥६५॥ विष्णुसहस्रनाम आवर्तन । उपरांत अध्यात्म रामायण । पारायणांचेर पारायण । श्रद्धापरिपूर्ण चलचें ॥६६॥ असो बरोच तेप वतकूच । माधवरावांचो वेळ येतकूच । साईसमर्थ कितें करीत स्वताच । आयकात कथा ही ताची ॥६७॥ माधवरावांची सेवा आयली फळाक । लावचो कितें तरी नेम जिवाक । भक्तीमार्गाचो जावचो प्रसाद । मेळचो सुसेग संवसारांत ॥६८॥ अशें बाबांच्या दिसलें मनाक । लागीं

आपोवन रामदासाक । म्हणलें ''घांस मारून आयलो पोटांत । पडटात दिसता आंतकड्यो तुटून ॥६९॥ चल, घालोवपाक ही पोटदुखी । घेवन यो बेगोबेग सोनामुखी । मारले बगर थोडीशी फकी । वच्ची ना दूखदूख पोटाची'' ॥७०॥ बावड्या रामदासान भावार्थान । पोथयेंत घालून दवरली खूण । गेलो बाजारांत धांवून । मानून आज्ञा श्रीसाईंची ॥७१॥ रामदास उठलो पोथये वयल्यान । बाबांनी कितें केलें हेवटेन । तत्काळ उठून आसना वयल्यान । गेले सरळ पोथये कडेन ॥७२॥ आसली हेर पोथयांत । पोथी विष्णुसहस्रनामाची एक । उखलून बाबांनी घेतली हातांत । बसले येवन आसनाचेर ॥७३॥ म्हणलें ''[1]शामा ही पोथी कितली । आसा पळय कल्याणकारी । म्हणून तुजे कडेन दितां ती । पळय मुजरत वाचून ॥७४॥ एकदां म्हाका उपरासली नड । काळीज लागलें करपाक धडधड । जाली जिवाची चडफड । दिसना धडगत म्हजी म्हाकाच ॥७५॥ अशा त्या प्रसंगाक । कितें केलें हांवें आयक । [2]पोथयेचो हे जालो उपेग । तरलो हो जीव तिकाच लागून ॥७६॥ खीणभर काळजाक सुसेग दिलो । तत्काळ हो जीव थंड जालो । दिसलें अल्लाच पोटांत देंवलो । जीव हो जगलो तिचेच खातीर ॥७७॥ म्हणून शामा ही तुका व्हर । वाचपाक हळूहळू सुरू कर । सदांच घे कसलेंय अक्षर । खोसदिणी व्हड ही'' ॥७८॥ शामान म्हणलें ती आपणाक नाका । कळ्ळयार रामदास तापयतलो म्हाका । हांवेंच चोरल्या दिसतलें ताका । भिरांत गैरसमज जावपाची ॥७९॥ आदींच तो सभावाचो पिसांट । आवटो खाश्ट तापट । कित्याक जाय ही कटकट । नाका मनस्ताप फुकटचो ॥८०॥ भरीक पोथयेची लिपी संस्कृत । म्हजी भाशा गांवठी अपवित्र । जोडाक्षरूय जिबेचेर ना उमटत । उच्चार पूर्ण म्हजे अस्पश्ट ॥८१॥ पळोवन बाबांचें कृत्य सकळ । बाबा लायताततशे दिसले कळ । बाबांक

१. ह्या नांवान बाबा माधवरावांक उलो मारताले. २. विष्णुसहस्रनाम.

शामाची कितली कळकळ । नासली जाणीव ताची शामाक ॥८२॥ ''शामा म्हजो आसतलो पिसो । पूण म्हाका पूर्ण लळो ताचो । मोग लायता जिवाक आगळो । ताचो कळवळो म्हाका व्हड ॥८३॥ ही विष्णुसहस्रनाम माळ । बांदतलों स्वता ताच्या गळ्यांत । घालयतलों ताचें संवसारदुख्ख । लायतलों संवय जिबेक ॥८४॥ नाम पापाचे दोंगर फोडटा । नाम देहाचें बंधन तोडटा । नाम वान्सेच्यो कोंडी सोडटा । उडयता हुमटून समूळ ॥८५॥ नाम काळाची मोडटा मान । चुकयता जल्ममरण आकर्शण । अशा सहस्रनामाची मनांतल्यान । लागची गोडी शामाक ॥८६॥ नाम यत्नांनी घेतल्यार शुद्ध । यत्नां विणेंय नासता अशुद्ध । मुखांत आयलें जर अनपेक्षीत । करतलें प्रगट प्रभाव ॥८७॥ नामा सारकें सोंपें आनीक । साधन ना अंतःशुद्धीक । नाम जिबेचें भुशण एक । नाम पोशण परमार्थाचें ॥८८॥ नाम घेवपाक लागना न्हाण । नामाक ना विधी आचरण । नामान सकल पाप निर्दळण । नाम पावन पूर्ण सदांच ॥८९॥ अखंड म्हजेंय नाम घेतल्यार । जातलो खरोखर बेडा पार । लागना साधन कसलेंच हेर । मेळटलो मोक्ष हाताक ॥९०॥ म्हज्या नामाचो ध्यास सतत । धुवन वतलीं ताचीं पापां समेस्त । तो गुणेस्ता परस गुणेस्त । जाका जप म्हज्या नामाचो'' ॥९१॥ हेंच बाबांचें मनोगत । ते प्रमाण मागीर ते वागत । शामा जरी नाका म्हणीत । बाबा तें घालीत बोल्सांत ॥९२॥ वाडवडिलांची पुण्याय सबळ । तातूंतल्यानूच साईकृपेचें फळ । अशें हें सहस्रनाम निर्मळ । घालयतलें तळमळ प्रपंचाची ॥९३॥ हेर कर्मांक लागतात विधी । नाम केन्नाय घेवचें [१]निरवधी । ताका ना काळ वेळ बाधी । उपासना सादी ना आनीक ॥९४॥ नाथांनीय हेच तरेन । आपल्या एका शेजाऱ्याचेर व्हरून । हेंच सहस्रनाम माथ्यार मारून । लायलो मार्गाक परमार्थाच्या ॥९५॥ नाथांच्या घरांत सदांच पुराण । शेजारी जातीचो

१. सेगीत.

ब्राह्मण । सोडिल्लो ताणें आपलो धर्म । बुडिल्लो वायट वेसनांनी ॥९६॥ केन्ना करिना पुराण श्रवण । वाड्यांत पावल दवरिना दुर्जन । नाथांक ताची दया येवन । धाडलें ताका आपोवणें ॥९७॥ उच्चवर्णीय आसून जल्म । फुकट वता हें जाणून वर्म । नाथांक आयली दया परम । कसो हो पावतलो मोक्षाक ॥९८॥ म्हणुनूच ताणें न्हयकारल्यार पसून । दिलो सहस्रनामाचो नित्यपाठ घालून । श्लोक एकेक वाचून वाचून । जालो ताचो पूर्ण उद्धार ॥९९॥ [1]ह्या सहस्र नामाचो पाठ । चित्तशुद्धीचो मार्ग [2]धोपट । परंपरागत हो परिपाठ । ताचीच ही धडपड बाबांक ॥१००॥ तेवटेन रामदास आयलो धांवत । घेवन सोनामुखी वखद । [3]अण्णा उबेच कळीचे नारद । खबर पूर्ण सांगली ॥१०१॥ रामदास मुळाचोच शिरफाल्त । वयल्यान नारद उजो पेटयत । मागीर सांगात कोणाक जमत । गावपाक आगळेपण त्या प्रसंगाचें ॥१०२॥ रामदास आदींच दुबावी मनांत । माधवरावांचोच दुबाव घेत । फारावपाक आपली पोथी म्हणीत । घाले बाबांक मध्यस्थीक ॥१०३॥ सोनामुखीची विसरलो खबर । घसरलो तो माधवरावांचेर । रागान जालो इंगळो प्रखर । केलो शिंवर गाळींचो ॥१०४॥ पोटदुखीचें हें धोंग सगलें । तुवेंच बाबांक मुखार काडलें । म्हज्या पोथयांचेर तुजे दोळे । चलचें ना हें म्हजे मुखार ॥१०५॥ पराक्रमी हांव रामदास नांवाचो । पोथी घेतले बगर ना सोडचों । तकली ही तुजे मुखार फोडटलों । व्हांवयतलों पाट रक्ताचे ॥१०६॥ म्हजे पोथयेचेर तुजो दोळो । स्वताच रचून हो खेळ सगलो । घालून बाबांचेर जातलो मेकळो । नांवा निराळो रावून ॥१०७॥ माधवरावान खूब समजायलो । रामदास आयकुपाक तयार नासलो । तेन्ना माधवराव कितें उलयलो । आयकात तें शांत

---

१. केशवस्वामीकृत श्रीएकनाथस्वामींचें चरित्र, अ. ५७, ओ. ३४ ते ७१ पळयात.

२. सरळ. ३. स. अण्णा चिंचणकर (दामोदर घनश्याम बाबरे).

चित्तान ॥१०८॥ हांव कपटी म्हूण बेठो । करूं नाका आरोप नस्तो । कितलो पोथयेचो करता उदो । असल्यो पोथयो पायलेक पंचवीस ॥१०९॥ तुजे ते पोथयेक लागलां भांगर । काय लागल्यात हिरे ना खबर । बाबांचोय विस्वास ते खातीर । धरिना तूं हें योग्य न्हय ॥११०॥ हट्टीपण ताचें पळोवन । विचारलें बाबांनी आपलेपणान । ''असो नेटान आड्ड्यो मारून । तापता कित्याक रे रामदासा ॥१११॥ आरे, हो शामा भुरगो आमचोच । शिरो तूं ताणटा कित्याक बेठ्योच । कित्याक तमाशा करता वगीच । जगा मुखार हो असो ॥११२॥ असो कसो तूं कलह तत्पर । कित्याक उलयना गोड उतर । इतल्यो ह्यो पोथयो वाचुनूय निरंतर । अजुनूय अंतस्कर्ण अशुद्ध ॥११३॥ सदांच अध्यात्म रामायण वाचता । सहस्रनामाचें आवर्तन करता । तरीय असो स्वैर वागता । आनीक म्हणटा स्वताक रामदास ॥११४॥ असो कसो तूं रामदास । तुवें सर्वार्थान आसूंक जाय उदास । तरीय सुटना पोथयेची आस । कितें ह्या कर्माक म्हणपाचें ॥११५॥ रामदासींक नासची ममता । ल्हान व्हडां विशीं आसची समता । तुजी तर ह्या भुरग्याक [१]विशमता । झोमून घेता पोथी हातांतल्यान ॥११६॥ चल बस वचून तुज्या जाग्यार । पोथयांचो तूं सोड विचार । मनीस मेळचो ना [२]आकल्प सोदल्यार । विचार अंतस्कर्णांत राखचो ॥११७॥ तुजे पोथयेची कसली महती । शाम्याक तातूंत कसली [३]गती । हांवेंच थंयच्यान उखल्ली ती । आनी दिली ताचे कडेन ॥११८॥ तुका जाल्यार ती तोंडपाठ । शाम्याक दिवचें अशें आयलें मनांत । वाचून दवरतलो आवर्तनांत । कल्याण भोव जातलें'' ॥११९॥ कितली ती वाणी रसाळ । म्होंवाळ आनी कनवाळ । तितलीच स्वानंदजळ शितळ । कितली भोव अपूर्व ॥१२०॥ रामदास शिटकावलो मनांतल्यान । म्हणलें माधवरावांक फणफणून । घेतलों पंचरत्नी गीता [४]बदलून । हें तुका आतां

१. भेद. २. जगाचे अखेरे मेरेन. ३. जाणविकाय. ४. तिच्या बदलाक.

सांगतां ॥१२१॥ रामदास इतलो निवळ्ळो । माधवराव खोशी जालो । एकूच कित्याक हांव धा दितलों । गीता तुका बदलाक ॥१२२॥ आसूं, फुडें तो वाद निवळ्ळो । गीता ग्रंथ जामीन उरलो । देव गीतेचो जाका ना कळ्ळो । ताका गीता कित्याक ॥१२३॥ साई मुखार अध्यात्म रामायण । करतालो जो पारायणांचेर पारायण । त्या रामदासान साईंक तोंड दिवन । करचें झगडें कित्याक अशें ॥१२४॥ हें तरी हांव सांगतलों कसो । दोश कोणाक दितलों कसो । प्रकारूय जर तो घडूंक नासलो । जाल्यार म्हत्व कशें कळपाचें ॥१२५॥ इतलें झगडें लायलें जाणें । बाबांचेंय घालयलें दुखणें । कल्याण आसा म्हजें [१]जेणें । अलोकीक देणें साईंचें ॥१२६॥ जावंक नासलो जर हो वाद । बसचो नासलो माधवरावांचो विस्वास । खरेंच चडचें नासलें अक्षर जिबेक । पाठूच जावचें नासलें ताका ॥१२७॥ असो हो साईनाथ प्रेमळ । खेळगडो परमार्थाचो दुर्मीळ । दामीत केन्ना कसली [२]कळ । करणी [३]अकळ तांची ॥१२८॥ फुडें शामाची भक्ती वाडली । [४]दीक्षितांक–[५]नरक्यांक ही उजळणी दिली । अक्षरवळख करून घेतली । केली पोथी तोंडपाठ ॥१२९॥ आसूं, हो माधवरावांचो [६]वाद । साई शुद्धबोध अनुवाद । परमानंदपूर्ण हो विनोद । निर्विवाद सूखदिणो ॥१३०॥ तशेच ब्रह्मविद्येचे जे अभ्यासक । व्हड मोग तांचो बाबांक । प्रसंगा प्रमाण अभिव्यक्तीक । दाखयताले कशे पळयात ॥१३१॥ एकदां जोगांचें टपालांत । आयलें पार्सल शिरडी पोस्टांत । घेवपाक तें धांव धांवत । गेले ते थंयसर ॥१३२॥ पुस्तक पळयता जाल्यार तें भाश्य । लोकमान्यांचें गीतारहस्य । खांकेक मारून

---

१. जातूंतल्यान. २. बटन. ३. कळपाक कुस्तार.

४. हरी सीताराम दीक्षित, बिए, एलएलबी, सॉलिसिटर.

५. प्रो. गणेश गोविंद नरके, एमए. ६. साईबाबां वांगडा जाल्लें उलोवप.

मशिदींत । गेले दर्शना खातीर ॥१३३॥ बागयतना तकली नमस्कारा खातीर । पार्सलूय पडलें बाबांच्या पांयांचेर । ''बापूसाब हो कितें प्रकार'' । विचारलें तांकां बाबांनी ॥१३४॥ पार्सल मागीर थंयच फोडलें । कसलें, कितें तेंय सांगलें । ग्रंथा सयत बाबांच्या हातांत दिलें । पळयलें तें बाबांनी ॥१३५॥ ग्रंथ काडून घेतलो हातांत । पळयलो चाळून खीणभरांत । बोल्सांतल्यान एक रुपया काडीत । दवरलो वयर कवतुकान ॥१३६॥ रुपया सयत तो ग्रंथ । घालो जोगांचे व्हंटयेंत । म्हणलें हो पुराय वाचात । जातलें तुमचें कल्याण ॥१३७॥ अश्यो अनुग्रहकथा बाबांच्यो । सांगूं येतल्यो जायत्यो । पूण त्यो जातल्यो ग्रंथ विस्ताराच्यो । म्हणून थोडे भितर सांगल्यात ॥१३८॥ एकदां शिरडींत अशें जालें । दादासाहेब खापर्डे आयले । घरच्यां सयत थंय रावले । भक्तीन रंगले बाबांचे ॥१३९॥ खापर्डे नासले सामान्य गृहस्थ । तें एक व्हड विद्वान प्रस्थ । साईं मुखार जोडून हात । दवरीत मस्तक पांयांचेर ॥१४०॥ आंग्लविद्या [1]पारंगत । कायदेतज्ज्ञां मदीं किर्तीमंत । उलेवपांतल्यान सगल्यांक हालयत । साईं मुखार मात धरीत मोनेपण ॥१४१॥ भक्त बाबांचे असंख्यात । मात तांचे कडेन मौनव्रत । खापर्डे नूलकर बुट्टी विरयत । धरपी भक्त मेळ्ळोना ॥१४२॥ हेर सगले उलयताले । कांय जाण वादूय घालताले । भीडभाड मुर्वत धरिनासले । मौनव्रत तें ह्या तिगांक ॥१४३॥ फकत धरिनासलेच मौन । बाबां मुखार बागयताले मान । अवर्णनीय तांचें तें लीनपण । श्रवणशालीनतायूय तशीच ॥१४४॥ विद्या पन्नास तरेन । समजून घेवच्यो जांचे कडल्यान । ते दादा साहेबूय मौन । धरताले मशिदींत येतांच ॥१४५॥ वेदांचें कितलेंय तेज । शुद्धब्रह्म मुखार निस्तेज । साई परब्रह्ममुर्ती [2]सतेज ।

---

१. तज्ज्ञ. २. तेजस्वी.

लजयताली ती विद्वत्तेक ॥१४६॥ राबितो तांचो चार [१]मास । घरकान्न रावली म्हयने सात । दोगांकूय दिसानदीस । भोव खोस भोगली ॥१४७॥ घरकान्न व्हड निश्ठावंत । साईचरणांचेर प्रेम अत्यंत । साईंक नेमान निवेद्य हाडीत । मशिदींत आपल्या हातांनी ॥१४८॥ जे मेरेन जायनासलें निवेद्य ग्रहण । ते मेरेन अस्तुरेक उपोशण । म्हाराजांनी करतकूच सेवन । मागीरूच जेवण तिचें ॥१४९॥ आसूं, एकदां आयली वेळ । बाबा परम भक्तवत्सल । अस्तुरेची श्रद्धा पळोवन [२]अचल । दाखयलो मार्ग निर्मळ ॥१५०॥ दरेकल्याची रीत आगळी । बाबांची मात सामकीच वेगळी । हांसतां खेळटां अनुग्रह [३]वितरी । जो उरचो दृढ अंतरांत ॥१५१॥ एकदां सांजो शिरो पुरी । भात वरण आनी खीर । सांडगे पापड कोशिंबीर । अस्तुरेन भरून हाडलें ताट ॥१५२॥ अशें तें ताट येना फुडें । बाबा भोव खुशाल जाले । रोखडेच आसना वयल्यान उठले । हात कफनीचे कवळीत ॥१५३॥ बसले वचून जेवणा कडेन । घेतलें ताट फुड्यांत ओडून । वयलें धांपणें कुशीक काडून । जाले तयार जेवपाक ॥१५४॥ निवेद्य हेरूय येताले बरेच । हाचे परसूय गोड कितलेशेच । बरेंचदां ते उरताले तशेच । मागीर होच इतलो प्रीय कित्याक ॥१५५॥ ही तर प्रपंचाची वार्ता । आफुडची कित्याक संतांच्या चित्ता । माधवरावजी साईसमर्था । म्हणटाले ही विशमता कित्याक ॥१५६॥ हेरांचीं ताटां तशींच दवरतात । कोणाचीं रुप्याचीय पयस भिरकायतात । मात हे अस्तुरेचें ताट येतांच उठ्ठात । खावपाक लागतात अजाप हें ॥१५७॥ हिचेंच अन्न कित्याक इतलें गोड । देवा, हें आमकां व्हड गूढ । कसलें तरी हें तुजें [४]गारूड । आवड निवड तुमकां कित्याक ॥१५८॥ बाबा म्हणीत ''वर्णूं [५]काय । अन्नाची ह्या अपुर्वाय । [६]आदीं ही

---

१. म्हयने. २. खंबीर. ३. दिताले. ४. इंद्रजाळ, जादू. ५. कितली. ६. फाटल्या एका जल्मांत.

एका वाणयाची गाय । दुदाळ टमटमीत आसली बरी ।।१५९।। मागीर ती खंय नाच्च जाली । माळ्या कडेन जल्माक आयली । तीच मुखार क्षत्रिया कडेन गेली । घरकान्न जाली वाणयाची ।।१६०।। फुडें ती जल्मली ब्राह्मणा पोटांत । दिसली बऱ्याच तेंपा उपरांत । प्रेमाच्यो दोन उंडयो पोटांत । बरे भशेन वचूं दी'' ।।१६१।। अशें म्हणून पोटभर जेवले । तोंड आनी हात धुयले । सहज तृप्तीचे धेंकर दिले । येवन बसले गादयेर ।।१६२।। अस्तुरेन मागीर करून नमन । चेपपाक लागली साईचरण । बाबांनी तीच संद पळोवन । दिलो तिका कानमंत्र ।।१६३।। बाई ज्या हातांनी पांय चेपी । बाबा ते हात आपल्या हातांनी दामी । पळोवन देव-भक्तांची चाकरी । करी मस्करी तेन्ना शामा ।।१६४।। बरें चल्लां म्हणपाचें देवा । कितलो मौजेचो हो देखाव । पळोवन हो एकामेकांचो भाव । [1]नवलाव भोव दिसता ।।१६५।। पळोवन तिचें सेवाकाम । प्रसन्न बाबांचें अंतर्याम । हळूच म्हणटाले ''राजाराम । राजाराम'' पद तोंडान ।।१६६।। अशें म्हणीत राव सतत । सफल जातलें आई जिवीत । शांत जातलें तुजें चित्त । हीत उपाट मेळयशी ।।१६७।। कितली त्या वचनाची मात । काळजांत खोल वचून खोंचत । वचनयोगानूच शक्तीपात । खीणभरांत करताले ।।१६८।। अशे कृपाळू साईसमर्थ । [2]प्रणतपाळ साईनाथ । पूर्ण करी नित्य भक्तमनोरथ । करताले हीत तांचें ।।१६९।। भोव हीत आनी प्रिती । भोव लीन श्रोत्यां विशीं । सांगतां हांव तें धरात चित्तीं । मागतां मागणें नमळायेचें ।।१७०।। दोमळो लंपट गोडाचे गोडयेक । गोमटी तुटल्यार पसून सोडिना धेंपीक । तशेच धरात साईचरणांक । राखतलो कृपा नदरेन तो ।।१७१।। भक्त-गुरू हें नातें आगळें । दोगूय एक, फकत आंग वेगळें ।

---

१. अजाप. २. नम्र.

बळयां करपाक गेल्यार वेगळे । शेणटा अभिमान करप्याचो ॥१७२॥ एकल्या बगर एक [१]ठेलो । कच्च्या गुरूचो कच्चोच चेलो । मात जो पक्क्या गुरूचो [२]केलो । [३]द्वैतांत ताका मोनेपण ॥१७३॥ गुरू रावता एका गांवांत । शिश्य ताचो दुसऱ्या गांवांत । अशें जाचें मन फुडारांत । ते दिखावू दोगूय ॥१७४॥ मुळांतूच जर नात दोन । वेगळेंपण मागीर तें खंयच्यान । एक रावना दुसऱ्या वीण । इतले अनन्य दोगूय ते ॥१७५॥ गुरू–भक्ता मदीं ना अंतर । अशें वास्तव्य निरंतर । माथें भक्ताचें गुरूचरणांचेर । उपचार होय स्थुलाचो ॥१७६॥ भक्त अद्वैत भजनपर । गुरूय अद्वैत भक्तपर । अशे समरस नासतकूच परस्पर । फकत तो वेव्हार नांवाचो ॥१७७॥ कशें मेळटलें अन्नआच्छादन । नाका हुसको इल्लो पसून । हें तर सगलें नशिबा आधीन । यत्नां बगर मेळपी ॥१७८॥ करपाक गेल्यार यत्नांनी संपादन । तरी तो जातलो व्यर्थ शीण । यत्नांनी जायात परमार्थसंपन्न । करात चिंतन हें रातदीस ॥१७९॥ 'उत्तिश्ठत' आनी 'जाग्रत' । घोरेता कित्याक खर न्हिदेंत । [४]श्रुतिमाय तारस्वरान गर्जत । प्रेमान जागयत भक्तांक ॥१८०॥ सर्वानर्थबीजभूत । अज्ञान न्हिदेंत जे जे लोळटात । तांणी वेळारूच जावन जागृत । गुरूज्ञान अमृत पियेवचें ॥१८१॥ म्हणून जावन सामके विनीत । जायात गुरूचरणी शरणागत । तो एक जाणटा विहीत [५]अविहीत । आमी बाळकां अज्ञानी ॥१८२॥ साहंकार किंचिज्ज्ञ जीव । निरहंकार सर्वज्ञ शीव । दोगांय कडेन अभेद भाव । जावपाक उपाय एक गुरू ॥१८३॥ अज्ञान उपाधी आत्मो 'जीव' । माया उपाधी आत्मो 'शीव' । जाणा घालोवपाक हो भेदभाव । समर्थ गुरूराय एकलोच ॥१८४॥ मन संकल्प विकल्प अधीन । करात साईचरणीं समर्पण । मागीर थंयच्यान मेळटा जें स्फुरण ।

---

१. खुंटलेलो, निरुपयोगी. २. मार्गदर्शनान तयार जाल्लो. ३. देव आनी जीव वेगळेवेगळे मानप. ४. काठकोपनिषद. ५. योग्य कितें अयोग्य कितें.

ताचें अहंपण ताचे कडेन ॥१८५॥ तशीच सगली क्रियाशक्त । तीय साई प्रती ओंपात । मागीर तो सांगता जे रितींत । वागचें स्थितींत तशेच ॥१८६॥ वळखात पूर्ण साईंची सत्ता । भार घालून तांचेर पुर्णता । कार्य करतकूच निरभिमानता । सिद्धी सगल्यो मेळटात ॥१८७॥ पूण म्हणशात हांव हें करीन । धरून मनांत अभिमान । फळ येतलें तत्काळ दिसून । कळाव लागचो ना खिणाचोय ॥१८८॥ मायामोह–रातींक । हे कुशीचें ते कुशीक । हेमाड दीत आसतना आळस । हरिगुरूकृपेक पावलो ॥१८९॥ तोय फकत भाग्यान । ना अभ्यासान, ना यत्नान । तांणीच फकत आपल्या हेतान । भोवमान दिलो अशें दिसता ॥१९०॥ करपाक भक्तांचो उद्धार । करून आपल्या चरित्राचो निर्धार । ग्रंथ बरोवन घेतलो सविस्तर । स्वता धरून हात तांणीच ॥१९१॥ अखंड आख्यान–सुत्र । अनन्य प्रेमफुलांचो तरेकवार । गुंथून हार मनोहर । ओंपुया आदरान श्रीसाईंक ॥१९२॥ मेळोवया [1]स्वराज्यशिंवासन । जावया स्वपदार विराजमान । भोगुया स्वानंद नम्रपणान । सुखायमान आपल्या अंतरांत ॥१९३॥ अशें अगाध साईचरित्र । फुडल्या अध्यायांत हाचे परसूय [2]विचित्र । ध्यान दियात खीणमात्र । आयकुपाक पवित्र आख्यान ॥१९४॥ फुडें येतले अध्याय तीन । बाबा हालनासतना जाग्या वयल्यान । दितात दृश्टांत कशे तरेन । पळयात तांची नवलाय ॥१९५॥ तातूंतलो सुरवातीचो अध्याय । लाला लखमीचंदाचो विशय । प्रेमसुत्रान बांदून पांय । दाखयली ताची सुवात ताका ॥१९६॥ बऱ्हाणपूरची अस्तुरी एक । तिचे खिचडेक उत्सूक । जावन केलें दर्शन इत्सूक । दाखयलें कवतूक प्रेमाचें ॥१९७॥ फुडें [3]मेघाक सपनांत । त्रिशूळ काडपाचो दिलो दृश्टांत । ताचे फाटल्यान अचकीत । मेळ्ळें लिंग

१. आत्मस्वरुपरुपी स्वराज्य. २. आगळेंवेगळें. ३. ह्या नांवाचो श्रींचो परम भक्त.

शंकराचें ॥१९८॥ अशे तरेच्यो अनेक कथा । थंयच्यान मुखार येतल्यो आतां । श्रोत्यांनी भक्तीन आयकतां । जातली सार्थकताय आयकुपाची ॥१९९॥ मिठाच्या खड्याचें दर्यांत मिलन । तसो हेमाड साईंक शरण । सोहंभावाचें अभिन्नपण । ताका अनन्यपणान करता नमन ॥२००॥ आनीक करता विनंती प्रेमान । लागचें रातदीस साईंचें ध्यान । सुच्चें न्हय कितेंच ताचे वीण । मन सावधान आसचें ॥२०१॥ जावचो फाटलो [1]परिहार । फुडलो टळून वच्चो पूर्ण । बाकी जें मध्यंतर । उरचें सतत गुरूचरणीं ॥२०२॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । दीक्षा अनुग्रह दान नांवाचो हो सत्ताविसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. निरसन.